AKASHVANI PANAJI NATIONAL BULLETIN 2 MAY 2025

आयज मुंबयच्या जियो वर्ल्ड कन्व्हेंशन सेंटरांत वेव्स परिशदेचो भाग म्हणून भारत पयलेच खेपे ग्लोबल मिडिया डायलॉग घडोवन हाडटलो . संवसारीक माध्यमां आनी मनरिजवणेच्या मळार देशाच्या संबंदांत ही कार्यावळ म्हत्वाचो थारता. काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मुंबयत जिओ वर्ल्ड कन्व्हेन्शन सेंटरात पयल्या संवसरीक द्रुक श्राव्य मानरीजवण शिखर परिषद (वेव्हज) २०२५ चे उकतावण केले.या वेळार उलयताना मोदी हाणी म्हणले की, वर्ल्ड ऑडिओ व्हिज्युअल अँड एंटरटेनमेंट समिट (वेव्हज) हे संक्षिप्त रूप ना, तर ते संस्कृती, सर्जनशीलता आणि वैश्विक संबंधांची लाट आसा. ही एक जागतिक माची जे कलाकार आणि निर्मात्यांच्या नवीन कल्पनांक उर्बा दितली अशे ताणी म्हळे. वेव्हज बाजार उपक्रमाचे कौतुक करताना ताणी म्हणले की ते न निर्मात्यांक उर्बा दितले.देश तिसऱ्या क्रमांकाची अर्थव्यवस्था जावपाच्या दिशेन प्रयत्नशील आसा अशे सांगुन ताणी म्हणले की, विकसित भारताकडे प्रवास आताच सुरू जाला. विदेश वेव्हार मंत्रालयाच्या आदारान जागतीक माध्यम संवाद म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालय हे घडोवन हाडटा . ह्या परिषदेंत ६० वयर देशांनी वांटो घेवपाची अपेक्षा आसा, तातूंत आशिया, युरोप, आफ्रिका, अमेरिकेंतल्या सगळ्या देशांतल्यान प्रतिनिधी मंडळांचो आस्पाव आसतलो . आंतरराष्ट्रीय सहकार्याक प्रोत्साहन दिवप, उत्तम पद्दतींक चालना दिवप आनी जागतीक माध्यम जाग्यार धोरण संरेखण, प्रतिभेचे आदान-प्रदान आनी क्षमता निर्माण करपाचे मार्ग सोदून काडप हो ह्या संवादाचो हेत आसा.आमी ऑरेंज अर्थव्यवस्थेच्या वाढीच्या युगाचे साक्षीदार आसात. ऑरेंज अर्थव्यवस्थेचे तीन स्तंभ म्हणजे आशय, सर्जनशीलता आणि संस्कृती. भारत संगीत, चित्रपट आणि गेमिंगचे जागतिक केंद्र जायत आसा. ऑरेंज अर्थव्यवस्थेच्या भरभराटीसयत, भारताचो ग्राफिक आणि एनिमेशन उद्योग प्रचंड वाडीक मुखार सरतलो आणि देशा खातीर आर्थिक समृद्धी हाडटलो अशे प्रधानमंत्री उलयले byte

---

---

काल १ मे च्या राती पाकिस्तान सैन्याच्या चौकांनी जम्मू-काश्मीराच्या संघराज्याच्या कुपवाडा, बारामुल्ला, पुंछ, नौशेरा, आनी अखनूर वाठारां मुखार नियंत्रण रेशेच्या हेर चौकांतल्यान अकारण ल्हान शस्त्रांचो आदार घेवन फारपेठ केलो .भारतीय लश्करी सैन्यान मापांकीत आनी प्रमाणबध्द पद्दतीन प्रतिसाद दिलो.भारतान LOC भोंवतणी अकारण फारपेठाक 'प्रमाणान' प्रतिकार केलो अशें भारतीय लश्करान सांगलें.

---

आयज खर गडगड आनी पावसाक लागून दिल्ली आनी नोयडा सयत राष्ट्रीय राजधानी प्रदेशाक खर उश्णताय ल्हारां पासून सुटका मेळ्ळी. दिल्ली आनी लागसारच्या वाठारांनी आयज सकाळीं धूळ वादळ आनी मध्यम पावस पडलो. भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन दिसांत उटानगाराचा पावसा संयत , गडगड, आनी वादळी वारें येवपाचो अदमास उक्तायला आनी राष्ट्रीय राजधानीत yellow अलर्ट जारी केला. हवामान खात्याच्या सप्तकी अदमासा प्रमाण आयज आनी फाल्यां पावसा वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा.

---

---

प्रधानमंत्री आयज सांजवेळा आंध्र प्रदेशांतल्या अमरावती शारांत अठ्ठावन्न हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें बुन्यादि फातर बसोवन उक्तावण करतले आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. तशेंच आंध्र प्रदेशांतल्या ग्रीन फिल्ड राजधानी शार अमरावतींत मुळावें भांडवल सुविधा बांदपाचेरय प्रधानमंत्र्यांनी बावतो दाखयलो . देशभरांत संवसारीक दर्ज्याची मुळावी बांदावळ आनी जोडणी सुनिश्चीत करपा खातीर सरकाराच्या वचनबद्धते प्रमाण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 7 राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी आंध्र प्रदेशांत 6 राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्प आनी एक रेल्वे प्रकल्पाचो बुन्यादि फातर बसयतले. तशेंच आंध्र प्रदेशाची ग्रीन फिल्ड राजधानी अमरावती हांगा 11,240 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या विधानसभा, उच्च न्यायालय, सचिवालय आनी हेर प्रशासकीय इमारतींचो बुन्याद घालतले. हे प्रसंगाचेर प्रधानमंत्री अमरावतीच्यान आभासीपणान नागायलंका हांगा विशाखापट्टणम हांगाच्या पीएम एकता मॉलाचो बुन्यादी फातर बसयतले.

---

उत्तराखंडांत आयज सकाळीं 7 वरांचेर केदारनाथ धामाची दारा  भक्तां खातीर उक्ती जाली .बाबा केदारनाथाची पूज्य पंचमुखी चल विग्रह उत्सव डोलीय लश्करी पंगडाच्या  सुरांक आनी भक्तीच्या उमेदीच्या तालार   धामाक पावल्या.

---

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला  हाणी  भाजपाचे  खासदार संजय जयसवाल हांची 2025-26 वर्साच्या अदमास समितीचो अध्यक्ष म्हणून नेमणूक केल्या. बिर्ला हाणी फुडल्या वर्सा 30 एप्रीलाक सोंपपी मुजती खातीर लागू जावपी 30 वांगड्यांची समिती घडोवन हाडली.

---

भारतांतलें पयलें अर्द स्वयंचलीत बंदर आशिल्लें विझिंजाम आंतरराष्ट्रीय खोल उदकाचें बहुउद्देशीय दर्यादेग आयज केरळांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी राष्ट्राक समर्पित करतले. देशांतलें पयलें खोल उदकांतलें कंटेनर transhipment बंदर आशिल्ल्या तिरुवनंतपुरमांतलें विझिंजाम बंदर सुरू करप भारतीय बंदर इतिहासांतली एक व्हडली घडणूक थारतली आनी केरळाक संवसारीक दर्यावेल्या नकाशांत सुवात मेळटली. तिरुवनंतपुरमांतल्या विझिंजाम बंदराचें अधिकृत काम आयज सकाळीं जातलें. प्रधानमंत्री बंदराच्या कार्यावळी इमारतीक भेट दितले आनी नियंत्रण प्रणालींची तपासणी करतले .बन्दर भौशीक-खाजगी भागीदारी मॉडेला खाला विकसीत करतात.विझिंजाम बंदराच्या पयल्या पांवड्याच्या बांदकामाचो मुखेल भाग डिसेंबर,2024 वर्सा पुराय जालो .केरलाचो हो प्रकल्प विझिंजाम बंदर निमाणें सुमार तीन दशकांचा   उपरांत पुराय  जावपाक लागलां. ह्या सुवाळ्याक केरळ राज्यपाल राजेंद्र विश्वनाथ आर्लेकर, मुखेलमंत्री पिनाराई विजयन, केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदका मार्ग मंत्री सर्वानंद सोनोवाल, राज्य मंत्री आनी हेर उच्च अधिकारी हाजीर आसतले.

---

एप्रीलांत विक्रमी जीएसटी वसुलींतल्यान भारतीय अर्थवेवस्थेची लवचीकता आनी सहकारी संघराज्याची परिणामकारकता दिसून येता अशें केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलां. एप्रील म्हयन्यांत एकूण जीएसटी वसुली 2.36 लाख कोटी रुपया जाल्या, जी एप्रील 2024 वर्सा 2.10 लाख कोटी रुपयांची एकूण वसुली परस 12.6 टक्क्यांनी वाडल्या.एप्रील 2025 वर्सा  जीएसटी वसुली 2.09 लाख कोटी रुपया

मेरेन पावली, जी वसुलीच्या तुळेंत 9.1 टक्क्यांनी वाडल्या लाख कोटी रुपया असली .एप्रील २०२४ वर्सा सोशल मिडिया पोस्टांत सीतारामन हांणी जीएसटी वास्तुकलेचेर योगदान आनी विस्वास राष्ट्राची प्रगती घडोवन हाडपी करदात्यांचे उपकार मानले. तिणें सांगलें, तांच्या योगदानांतल्यान विकसित भारत उबारपाची घेतिल्ली वचनबद्धताय दिसून येता. भारताच्या जीएसटी चौकटींत समान भागीदार उरपी सगळ्या राज्यांच्या अर्थमंत्री आनी राज्य जीएसटी प्राधिकरणांच्या समर्पीत यत्नांचेरूय सीतारमण हांणी भर दिलो. तशेंच केंद्रीय अप्रत्यक्ष कर आनी कस्टम मंडळाच्या शेतकी संघटनांच्या प्रामाणीक यत्नांक अर्थ मंत्र्यांनी जाणून घेतले . जीएसटी वसुलींत अर्थीक कार्यावळीच्या उंचेल्या पांवड्याक लागून जालय

---

राष्ट्रीय राजधानी प्रदेश येरादारी म्हामंडळान दिल्ली-गाझियाबाद-मीरठ मार्गाच्या निमाण्या भागाचेर नमो भारत गाडयेची चांचणी सुरू केल्या आनी ती ह्या विभागांतलें निमाणें स्टेशन मोदीपुरमांत पावतली. काल चांचणे वेळार शतबदी नगर आनी मोदीपुरम हांचे मदीं ही गाडी चलोवन मेरठाच्या भूंयगत विभागांतल्यान पयलेच खेपे नमो भारत गाडी चलली.

---